**सागरी शिक्षण आनी प्रशिक्षणा खातीर कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स आनी  गुजरातच्या गणपत विद्यापीठा मजगती समजीकाय कबलात**

ता. 16 जुलय  2024

कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खात्याच्या बिठ्ठोण हांगाच्या मरीटाइम स्कूलातल्या सागरी शिक्षण आनी प्रशिक्षणाचो दर्जो वाडोवप आनी सुदारणा करपा खातीर  बंदरां मंत्री श्री आलेक्स सिक्वेरा हांच्या उपस्थितीत  काल पर्वरे सचिवालयात कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स खाते आनी गुजरातच्या गणपत विद्यापीठा मजगती समजीकाय कबलात जाली.

कॅप्टन ऑफ पोर्ट्स श्री ऑक्टाव्हियो रॉड्रिग्स, बंदर उपकप्तान श्री प्रेमलाल शिरसयकर, गणपत विद्यापीठाचे प्रो-चान्सलर डॉ. महेंद्र शर्मा, गणपत विद्यापीठाचे प्रो- वायस चान्सलर डॉ. आर के पटेल, डॉ. सौरभ दवे, डॉ. सत्येन पारीख, कार्यकारी कुलसचीव डॉ. गिरीश पटेल, कॅप्टन गिरीराज तेजरा, कॅप्टन श्री प्रकाश राजाराम पाटील आनी  जितेंद्र सिंह रावत ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

गोंय सरकारान भौशीक- खाजगी भागीदारीतल्यान मरीटाइम स्कूलातल्या सागरी शिक्षण आनी प्रशिक्षणाचो दर्जो वाडोवपा वांगडाच नवीन अभ्यासक्रम सुरू करपा खातीर  "गोवा इन्स्टिट्यूट ऑफ मेरीटाइम एक्सलन्स (GIME)" प्रस्तावाक मंजुरी दिल्ली आसा. गणपत विद्यापीठाच्या  सहकार्यान इन्स्टिट्यूट ऑफ मेरीटाइम एक्सलन्सात अनेक अभ्यासक्रम सुरू करपात येतले. शिपिंग आनी लॉजिस्टिक मॅनेजमेंट, मास्टर (कोस्टल) यॉट्स,  डिंगी सेलिंग/कयाक/सी बॉब/वॉटर टॉय प्रशिक्षण, स्विमिंग पूल जीवरक्षक अभ्यासक्रम, बीच गार्ड, स्कूबा डायव्हिंग, फ्लाय बोर्ड ह्या सारखे साहसी अभ्यासक्रम, पॉवर बोट फिशिंग ट्रॉलर स्किपर नेव्हिगेशन आनी इलेक्ट्रिक पॉवर बोट ऑपरेटर,  पर्सनल क्राफ्ट ऑपरेटर, हाय-स्पीड क्राफ्ट ऑपरेटर, जेट स्की ऑपरेटर, क्राउड मॅनेजमेंट, पॅसेंजर सेफ्टी अशा तरेचे अल्प-मुजतीचे  अभ्यासक्रम सुरू करपात येतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2024/317

--
-----------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,Panaji – Goa.